# <u>खाजगी रानां सर्वेक्षण नोंदणीचो नियाळ करपा खातीर तपासणी पंगड</u>

ता. 22 सप्टेंबर 2020

व्ही. टी. थॉमस आनी एफ. एक्स. आरावजो समितीन खाजगी रानां वाठांर सर्वेक्षण अहवालात तात्पुरती नोंद केल्ल्या खाजगी रानां वाठारांचो नियाळ घेवपा खातीर सरकारांन उत्तर गोंयाखातीर ६ आनी दक्षीण गोंया खातीर ४ तपासणी पंगडाची नेमणूक केल्या. हे पंगड रान सर्वेक्षण नकाशा प्रमाण खाजगी रानांक लागू आशिल्ले निकश तपासपाचे काम करतले. खाजगी रानां वाठारांत प्रत्यक्ष जागेचेर भेट दिवन तपासणी पंगड संबंदीत उपरानपालाच्या देखरेखी खाला काम करतले.

उत्तर गोंयांत तिसवाडी तालुक्यातल्या गांसीम, तळावली आनी गौळीमौळा गांवांखातीर आयएसएलआर तिसवाडी, आरएफओ पणजी आनी संबंदीत गांवचे तलाठी, बार्देस तालुक्यातल्या साल्वादोर द मुंद आनी सुकुर गांवांखातीर आयएसएलआर बार्देस, आरएफओ पणजी आनी संबंदीत गांवचे तलाठी, बार्देस तालुक्यातल्या उकसय, पेन्ह-द-फ्रान्स, पोम्बुर्पा, ओलावली आनी नास्नोडा गांवांखातीर आयएसएलआर बार्देस, आरएफओ केरी आनी संबंदीत गांवचे तलाठी, पिळर्ण, शिवोली, रेईश मांगूस, मार्णा आनी ओशेल गांवांखातीर आयएसएलआर बार्देस, आरएफओ केरी आनी संबंदीत गांवचे तलाठी, बार्देस/पेडणे तालुक्यातल्या आसगांव, पर्रा, हडफडे, वेर्ला, कळंगुट, तेरेखोल, हरमल, पालये, पेडणे आनी धारगळ गांवांखातीरआयएसएलआर बार्देस, आरएफओ पेडणे आनी संबंदीत गांवचे तलाठी आनी धारबांदोडा तालुक्यातल्या पिळये, सांगोड, धारबांदोडा, साकोर्डा, शिगांव आनी मोले गांवांखातीरआयएसएलआर फोंडा, आरएफओ फोंडा आनी संबंदीत गांवचे तलाठी उपसमितीचे वांगडी आसात.

दक्षीण गोंयांत धारबांदोडा तालुक्यातल्या कोडली, कामरखंड, बांडोळी, करमणे, मैसाळ गांवांखातीरआयएसएलआर फोंडा, आरएफओ सांगे आनी संबंदीत गांवचे तलाठी, मुरगांव तालुक्यातल्या दाबोळी, आरोसी, चिकोळणा, कुठ्ठाळी, सांकवाळ, केळशी, कोंसूवा, चिकली, कुयेली गांवांखातीरआयएसएलआर मुरगांव, आरएफओ कुर्डी आनी संबंदीत गांवचे तलाठी, साश्ट तालुक्यातल्या कुडतरी, लोटली, कामुर्ली, राय, नागोवा, नुवें, वेर्णा, गिरदोली, माकाझान, मुळ्ळे, पारोडा, कावरे, सारझोरा, धर्मापूर, चिंचिणी, वेळ्ळी, आंबेली, कुंकळ्ळी, तळवोर्डा, दिकारपाली, सेंट. जुजे द आरिएल मडगांव शार वाठारांखातीर आयएसएलआर साश्ट, आरएफओ भोवतो पंगड आनी संबंदीत गांवचे तलाठी, काणकोण तालुक्यातल्या श्रीस्थळ, नगर्से-पाळोले, आगोंद, खोला, पैगीण, लोलये गांवांखातीरआयएसएलआर केपे, आरएफओ काणकोण आनी संबंदीत गांवचे तलाठी, केपे तालुक्यातल्या किटला, नाकेरी, फातर्पा, मोरपिर्ला, केपे,

क्विसकोडा, पाडी, तिळय गांवांखातीरआयएसएलआर केपे, आरएफओ पिसोर्णे आनी संबंदीत गांवचे तलाठी, केपे तालुक्यातल्या बाळ्ळी, अडणे, आंबावली, असोल्डा, शेळवण, ओडार, शिरवय, शेल्डे, दियाव, काकोडा, नागवे, झानोडे, मळकर्णे, कावरे, रिवण, पिर्ला, कुर्ला, काजूर, उंडोम, सुळकर्ण, कुसमाणे, मायणा गांवांखातीर आयएसएलआर केपे, आरएफओ केपे आनी संबंदीत गांवचे तलाठी, सांगे तालुक्यातल्या कोळंब, कुर्पे, नेतुर्ली, विचुंद्रे गांवांखातीरआयएसएलआर सांगे, आरएफओ कुर्डीआनी संबंदीत गांवचे तलाठी आनी सांगे तालुक्यातल्या साळावली, पोत्रे, उगें, पाटये, मुगोळी, सावर्डे, कोंपराय, कोरगिणी, आंतोरी, रूमडे, नायकीणी, कुमारी, विलयण, भाटी, तुडव, सांगे, कोटार्ली, शेळपे, सांतोणा गांवांखातीरआयएसएलआर सांगे, आरएफओ सांगे आनी संबंदीत गांवचे तलाठी उपसमितीचे वांगडी आसात.

हे पंगड प्रत्यक्ष खाजगी रानां वाठारांत भेट दिवन रान वाठारांच्यो शिमो, झाडां आनी हेर मालमत्तेची तपासणी करतले. तपासणी कामा वेळार जमीन मालकाक हजर रावपाक संद दितले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/485

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA